राष्ट्रीय खबरो 30.09.2025 @ 8.40 am

- एनडीए सरकारांन देशांत बऱ्या प्रशासनाचें नवें मॉडेल दिला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें
- भारत आणि भूतानान एकूण चार हजार तेततीस  कोटी रुपयांच्या दोन सीमा/पार रेल्वे लिंक प्रकल्पांची स्थापना करपाक सहमती दर्शयल्या.
- गंगा संवर्धन हो फकत पर्यावरणीय यत्न न्हय तर भारताच्या सांस्कृतीक दायज, श्रध्दा आनी लाखांनी लोकांच्या जिवन  रेशे/कडेन ताचो आंतरिक संबंद आसा हाचेर  केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी भर दिला
- प्रो कबड्डी लीगांत काल रातीं  दबंग दिल्ली केसीन हरियाणा स्टीलर्साक आठतीस आड साततीस  अशे हारायले

मोडी 65

एनडीए सरकारांन देशांत बऱ्या प्रशासनाचें नवें मॉडेल दिला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें आनी नव्या gst सुदारणांचो फायदो सामान्य नागरिका मेरेन पावचो हे खातीर भाजपा कार्यकर्त्यांक उलो मारलो . काल दिल्लीत  दीनदयाल उपाध्याय मार्ग हांगा नव्यान बांदिल्ल्या दिल्ली भाजप कार्यालयाचें उक्तावण करतना प्रधानमंत्री हांणी सांगलें,कि एनडीए सरकारान देशाची आनी नागरिकांची सुरक्षेक सगळ्यांत चड प्राधान्य दिवन देशाक व्हड घोटाळ्यांतल्यान मुक्त करून भ्रश्टाचारा आडच्या

निर्णायक - झुजांत आत्मविस्वासाची भावना निर्माण केल्या

वैष्णव 60

भारत आणि भूतानान एकुण चार हजार ३३ कोटी रुपयांच्या दोन सीमापार रेल्वे लिंक प्रकल्पांची स्थापना करपाक सहमती दर्शयल्या. रेल्वे प्रकल्पात कोक्रा/झार-गेलेफू आणि बनार/हाट-समत्से आसपावतात. मजगती रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आणि बिहारचे उपमुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हांणी बिहाराक तीन अमृत भारत एक्सप्रेस गाड्यांसयत सात गाडयो समर्पित केल्यो. हाका लागून  राज्याची कनेक्टिव्हिटी आनीक सुधारतली, जी विकसित बिहारा वरवी विकसित भारताचे सपन  साकार करपाच्या दिशेन एक महत्त्वाचे पावल आसा अशे वैष्णव हाणी सांगले Byte

स्टोरी 20

दर्जेदार शिक्षण रोजगार कुशळताय आणि येसस्वी उधेजक घड्पाक    प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या फुडारपणाखाला मारील्ल्या पावला विशी   हो आसा खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट  byte edu bldg.

पाटील 85

गंगा संवर्धन हो फकत पर्यावरणीय यत्न न्हय तर भारताच्या सांस्कृतीक दायज, श्रध्दा आनी लाखांनी लोकांच्या जिवन रेशेकडेन ताचो आंतरिक संबंद आसा हाचेर केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी भर दिला. नवी दिल्लींत गंगा पुनरुज्जीवनाचेर सशक्त कार्य/दळाचे सोळावे बसकेचे अध्यक्ष/पदार उलयताना पाटील हाणी हे मत मांडले. कामगिरीचेर समाधान उक्तायतना केंद्रीय मंत्र्यान फाटल्या वर्सा कार्यदळान घेतिल्ले सुमार 80 टक्के प्रश्न येसस्वीपणान सुटावे जाल्यात अशें स्पश्ट केलें. तांणी फुडें सांगलें की हे काम गंगा पुनरुज्जीवना खातीर घटमूट बुन्याद घालतात, वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या यत्नांक लागून गंगा आनी तिच्या उपन्हंयांक एक समग्र चौकट तयार करतात.

स्टोरी 20

शिक्षणाची बुन्याद घट करून भूरग्यांचो बरो फुडार घडोवपाक नरेंद्र मोदी सरकारण राष्ट्रीय शिक्षण धोरण चालिक लायले. हेच विशी   हो आसा खबरा विभागाचो खासा रिपोर्ट  byte nation. edu

Gst 75

**नेक्स्ट जनरेशन जीएसटी सुधारणां अंतर्गत सरकारान खेळणीं आनी खेळां उपकरणांचेर जीएसटी दर 12 टक्क्यां वयल्यान 5 टक्क्यांनी उणो केला. ह्या निर्णयाक लागून गिरायक आनी उत्पादकांक थाकाय मेळटली, जाका लागून घरगुती खेळणीं उद्देगाक चालना मेळटली.**

हवामान 40

भारतीय  हवामान खात्यान आज सौराष्ट्र आनी कच्छांतल्या काय  सुवातिनी पावस पडपाची दिल्या. फुडल्या 2 दिसां खातीर आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, छत्तीसगड, आंध्र प्रदेश, ओडिशा आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांत काय  सुवातिनी पावस पडपाचो अदमास दीला.

स्पोर्ट्स 40

प्रो कबड्डी लीगांत काल रातीं चेन्नयच्या s.d.a.t मल्टीपर्पज इंडोर स्टेडियमांत दबंग दिल्ली केसीन हरियाणा स्टीलर्साक आठतीस  आड साततीस  अशे हारायले . आयज तेलुगू टायटन्स आनी पटना पायरेट्स आनी उपरांत बंगाल वॉरियर्स आनी पुणेरी पलटन हांचे मदीं आनीक एक मॅच जातली.

**आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो**

- एनडीए सरकारांन देशांत बऱ्या प्रशासनाचें नवें मॉडेल दिला अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें
- भारत आणि भूतानान एकूण चार हजार तेततीस  कोटी रुपयांच्या दोन सीमा/पार रेल्वे लिंक प्रकल्पांची स्थापना करपाक सहमती दर्शयल्या.
- गंगा संवर्धन हो फकत पर्यावरणीय यत्न न्हय तर भारताच्या सांस्कृतीक दायज, श्रध्दा आनी लाखांनी लोकांच्या जिवन  रेशे/कडेन ताचो आंतरिक संबंद आसा हाचेर  केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी.आर.पाटील हांणी भर दिला
- प्रो कबड्डी लीगांत काल रातीं  दबंग दिल्ली केसीन हरियाणा स्टीलर्साक आठतीस  आड साततीस  अशे हारायले

-----------